Panaji Regional 7th February 2025 7.25am

Goa Assembly – 250

गोय विधानसभेचे दोन दिसांचे शियाळी अधिवेशन काल राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लई हांच्या अभिभाषणात सुरु जाले. खाजगी जमनीचेर आशिल्ल्या बेवारस लोहखनिजाच्या ई- लिलावांतल्यान राज्य सरकाराक व्हड प्रमाणांत येणावळ मेळटली अशी आस्त आसा अशें श्रीधरन पिल्लई हांणी सांगलें. सभाघर सुरू जाताच, विरोधी पक्षाचे सदस्य उभे रावले आणि म्हणले की अधिवेशन चड काळ चलुंक जाय आशिल्ले .सभाघरांत शिश्टाचार तिगोवन दवरपाचें आवाहन सभापती रमेश तवडकार हांणी केला. "राज्यांतल्या वेगवेगळ्या खाजगी सुवातींनी डंपांच्या रुपांत पडून आशिल्ल्या दावो नाशिल्ल्या लोखण धातुची ई-लिलाव करपाची परवानगी दिवपी सुदारीत गोंय लोखण धातुक डंप हाताळणी धोरण, 2023 सरकारान मान्य केल्या इकरा खण ब्लॉक लिलाव जाल्यात, तातूंतले दोन खणींनी काम करपाक सुरवात केल्या. फुडल्या दोन म्हयन्यांत आनीक दोन-तीन खणी सुरू जातल्यो. सुमार 5.2 कोटी टन मोलाचे अठरा उण्या दर्जाचे खण डंप लिलावा खातीर दवरल्यात, जाका लागून राज्याक व्हड प्रमाणांत येणावळ मेळटली. आनी प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रोजगार निर्माण जातलो अशें तांणी सांगलें.

तशेंच मंडोवी आनी ज़ुआरी न्हंयांनी रेंव मॅपिंग तयार करपा खातीर अर्ज मागयल्यात अशें राज्यपालांनी सांगलें.

ह्याच काळांत मधमाशी पोसपा खातीर प्रोत्साहन येवजणे खाला 60 मधमाशी पेटी खातीर 29 प्रस्ताव मान्य केल्यात अशें तांणी सांगलें,

एक दिसाचे सेशन दोन दिसांचे सेशन अशे जायना. कॅबिनेटाचो सल्लो घेवन राज्यपाल सेशन अपयतात. विरोधी पक्षान लोकांचे प्रस्न मांडप आनी सरकारान ताजी जाप दिवप. सरकाराक जाप दिवपाची ना म्हुणुन सरकारान एका दिसाचे सेशन अपयला असो आरोप फुडारी विजय सरदेसाय हाणी केला.

उपरांत विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोंयात नोकरभरती,म्हादय,गुन्हयाव,मीन वेवसाय ,भ्रश्टाचार ह्यारखे विशय सध्या गाजतात ,ताका लागुन चड दीसाचे अधीवेशनाची गरज आसुन लेगीत फकत दोन दीसाचे अधिवेशन आपवोप चुकीचे अशे पत्रकार परीशद घेवन म्हणला.

Sushant 85

प्रयागराजात जावपी महाकुंभ मेळाव्याक हाजेरी लावपाक घेवन गेल्ल्या १३०० भाविकांचे रेल गाडयेक काल  सकाळी समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी निरोप दिलो. हयावेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, मुरगावचे आमदार संकल्प आमोणकार, भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष आनी आदले आमदार दामोदर नायक तसेच पणजीचे आदले आमदार सिद्धार्थ कुंकळयेकार हे हाजीर आशिल्ले.
मंत्री फळदेसाई हांणी हयावेळार यात्रेक वचपी भाविकांकडेन संपर्क सादला. ८ फेब्रुवारीक ही गाडी प्रयागराज हांगा पावतली आनी ९ फेब्रुवारी ती परत गोंयां येवपाक भायर सरतली अशें तांणी हयावेळार सांगले. यात्रेक वचपी भाविकांमदी एक खोशयेचे वातावरण पातळिल्ले हयावेळार दिसताले.

--------------------------------------------------

Ganesh 75

गोंयांत सनातन धर्मांचो विस्तार जावन गोंयची वळख फक्त दर्या मेरेन उरुंकना जाल्यार अध्यात्मा खातीर गोंयची वळख तयार जाल्या. प्रयागराज वचपी रेलगाडयें मागणी वाडली जाल्यार आनीक ट्रेनी सुरु करतले, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.
मुखेलमंत्री देवदर्शन येवजणे अंतर्गत गोंया सावन प्रयागराज महाकुंभ वचपी विशेष रेलगाडयेक करमळे रेल्वे स्टेशनार डॉ. सावंत हांणी पांचवो बावटो दाखयलो.  सुमार 1200 लोक पयलें रेलगाडयेंतल्यान महाकुंभात पवित्र स्नान करपा खातीर गेल्यात. फुडें अशींच रेलगाडी 13 आनी 21 फेब्रुवारींक सुट्टली.

ISL – 55

इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तींत काल गोंयच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत फुटबॉल क्लब गोंवान ओडिशा फुटबॉल क्लबाक 2-1 अशे हारयलो. हया जैताक लागून फुटबॉल क्लब गोवा  36 गूण मेळोवन दुसरे सुवातेर पावलो. फुटबॉल क्लब गोवा आपली फुडली मॅच 12 फेब्रुवारीक मुंबय सिटी फुटबॉल क्लबा आड खेळटलो जाल्यार ओडिशा फुटबॉल क्लब 10 फेब्रुवारीक पंजाब फुटबॉल क्लबा आड खेळटलो.
Ganesh 170

7 आनी 8 फेब्रुवारीक कला अकादेमींत 'सुर जहान संगीत' महोत्सव

कला आनी सांस्कृती खात्यान 7 आनी 8 फेब्रुवारीक सुर जहान संगीत महोत्सव

घडोवन हाडला. कला अकादेमींत जावपी ह्या महोत्सवांत थळावे, देशी आनी विदेशी कलाकार आपली कला सादर करतले अशें कला आनी सांस्कृतीक मंत्री गोविंद गावडे हांणी सांगलें. बिरेस्तारा पणजेंत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. ह्या वेळार खात्याचे संचालक सगुण वेळीप आनी अमिताव भट्टाचार्य हाजीर आशिल्ले. मंत्री गावडे हांणी सांगलें, 7 फेब्रुवारीक सकाळीं 10.30 ते दनपारां 1 वरां मेरेन अंब्रेला एनसेंबल आनी अल मोलर ह्या संगीत बँडांतले कलाकार संगीताचेर कार्यशाळा घेतलें. सांजवेळा 6 वरांचेर कार्यावळीचें उक्तावण जातलें. उक्तावण सुवाळ्याक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाजीर आसतले.